# जीएमसी ओपीडीं खातीर ऑनलायन अपॉन्टमेंट सेवा

ता. 30 जानेवारी 2026

गोंय वैजकीय महाविद्यालयांतल्या ओपीडीं सेवा खातीर 4 फेब्रुवारी 2026 सावन ऑनलायन अपॉन्टमेंट बुकिंग सुरू करतले. जनरल मेडिसीन, जनरल सर्जरी, ईएनटी, ऑर्थोपेडिक आनी डर्मेटोलॉजी (स्किन) ह्या ओपीडी खातीर दरेकी 100 ओपीडी स्लॉट प्रायोगिक तत्वाचेर ऑनलायन बुकिंग आसतले. लोकांनी https://www.gmcgoa.edu.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवन ऑनलायन ओपीडी बुकिंग सेवेचो लाव घेवचो.

दुयेंतीन मोबायल आदारीत ओटीपी पद्दती वरवीं नोंदणी करतना आभा कार्ड वा डीडीएसएसवाय कार्ड असो मुळावो तपशील भरपाक जाय. नवीन दुयेंतींक ऑनलायन अपॉन्टमेंट बुकिंग करपा खातीर एकवेळ 100/- रूपया (भारतीय नागरीक) आनी 250/- (विदेशी नागरीक) फारीक करचे पडटले आनी ही नोंदणी दोन वर्सां ग्राह्य आसतली. अपॉन्टमेंट बुकिंग यशस्वी जाल्या उपरांत स्लिप तयार जातली, जी संबंदीत ओपीडीत दाखोवची पडटली. बुक केल्ल्या स्लॉटाच्या अर्दवर पयली दुयेंतीन ओपीडीत हजर रावपाक जाय. ह्या सेवेच्या प्रक्रियेविशीं तपशीलवार म्हायती https://www.youtube.com/watch?v=UIANtHuOngw ह्या लिंकाचेर उपलब्ध आसा. कसलीय अडचण आसल्यार लोकांनी मेडिकल रिकॉर्ड विभाग, ओपीडी क्र. 15, पयलो माळो, ओपीडी ब्लाक, गोंय वैजकीय महाविद्यालय हांगा संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/86

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.